एक आसलो..

भरत नायक

[illegible]
[illegible]
[illegible]

गोवा कॉंकणी अकादेमी मोगाळ भेट
243, पाटो कॉलनी
पणजी - गोंय

एक आरोलो

(कवनकाणयो)

भरत रघुवीर नायक

नामी प्रकाशन
सी-१, गोल्डन हील व्यू, रेगो नगर
बांबोळी - गोंय ४०३२०२

एक आसलो... (कवन काणयो) Ek Aslo.....(ballads

बरोवपी: भरत रघुवीर नायक by

Bharat Naik

प्रकाशन क्र.: १५

© सगले हक्क लेखका सुवादीन

पयली उजवाडावणी :नोव्हेंबर २००५

उजवाडावपी: नामी प्रकाशन
सी-१, गोल्डन हील व्यू, रेगो नगर,
बांबोळी, गोंय. ४०३२०२

मुखचित्र: साईनाथ परब

भितरलीं चित्रा: परमेश जोल्द, भरत नायक

अक्षर जुळवणी: कलाकृती,
मधूबन कॉम्प्लेक्स, तामडी माती, सांत ईनेज,
पणजी-गोंय. फोन: २४२६५२६

मोल : 40/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या
बालसाहित्य अर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां.

मांडावळ

१.	घोडो	४	२५.	घोण	३५
२.	हत्ती	५	२६.	कोलो	३६
३.	वाग	६	२७.	जल्लो	३८
४.	शींव	७	२८.	भिकूण	३९
५.	ऊंट	८	२९.	जिवाणें	४०
६.	गेंडो	९	३०.	जळार	४१
७.	चानी	१०	३१.	मूय	४२
८.	सोंसो	११	३२.	म्होंवामूस	४३
९.	बुकलो	१२	३३.	कोंबी	४५
१०.	सुणो	१३	३४.	बेबो	४६
११.	माकड	१४	३५.	नाग	४७
१२.	बोकडी	१५	३६.	मानगें	४८
१३.	हुंदीर	१६			
१४.	म्हस	१८			
१५.	पाडूक	२०			
१६.	रेडो	२१			
१७.	गाय	२३			
१८.	मोर	२५			
१९.	बगळो	२७			
२०.	कोंबो	२८			
२१.	कीर	३०			
२२.	कावळो	३२			
२३.	बकें	३३			
२४.	घुगूम	३४			

१. घोडो

एक आसलो घोडो
धांवन धांवन थकलो
तण खातां खातां ताच्या
पोटांत गेलो बेडो
रेड्यान ताका घरा व्हेलो
पिवंक दिलो कडो
ओडूंक लायलो गाडो
ओडटां ओडटां गाडो
ओंकून पडलो बेडो

२. हत्ती

एक आसलो हत्ती
भोंवत आसलो राती
ताचे वाटेर लायल्यो वाती
पांयांक घालीं जोतीं
वाती लिकलिकित
जोतीं चरचरीत
चोर सगले भिले
गांव सोडून गेले.

३. वाग

एक आसलो वाग
ताका येतालो राग
सगल्यांनी ताका धरलो
''मस्ती करतलो? सांग''
म्हणलें ''चूक माग''
वागाक आयलो राग
वागान केलें ''गुर्रर्र''
मारली व्हडली दांग
सगले पळळे फुर्रर्र

४. शींव

एक आसलो शींव
राजा कसो बसतालो
थंय आयलो बारीक जीव
जीवान म्हणलें "मदलो ऊठ्ठा
काय तुजें रगत पिवं?"
शिंवान म्हणलें "हांव तुका भिवं
काय एक थापट दिवं?"
शिंवान मारलें थापट
तें पडलें रेंवेंत
जिवान मारली उडी
भितर गेलो ल्हंवेंत
शींव घूंव घूंव
जीव चींव चींव

५. ऊंट

जमनीर बसलो ऊंट
ऊठ ऊठ ऊठ
फाटीर मारली मूठ
थंयच आयलें गूट
तरी ऊंट उठना
मानेक लायली सूंठ
मान जाली लांब
तरी करना काम
चारूय पांय ओडले
ते जाले व्हडले
उबो रावलो झेतान
चलूंक लागलो वोतान

६. गेंडो

एक आसलो गेंडो
दाट दाट कातीचो
मस्ती करूंक आयकनासलो
कितलोय मारल्यार लागनासलो
तकलेर ताचे पडलो कोंडो
थंयच फुटलें शींग
गेंडो जालो झींग
खांवंक दिलो कुंडो
कुंड्याक पळोवन गेंड्यान
वांकडो केलो सोंडो
आनी खायत रावलो कोंडो

७. चानी

एक आसली चानी
झाडावयली राणी
तिका लागली तान
पियेन दिसलें पाणी
पाणी लागी दिसना म्हूण
हाडून दिल्यो मानी
मानी भितर पावसाचें
भरून आसलें पाणी
मानीक तोंड लाय जाल्यार
कुसक्यो कुसक्यो घाणी
चानयेन म्हणलें "जानी,
हांव हांगाची राणी
म्हाका असल्यो घाणी?"
धांवत गेली नानी
हाडून दिलें पाणी

८. सोंसो

एक आसलो सोंसो
थंय पावलो एक पिसो
पिशाक पळोवन सोंशाक
असो फुटलो हांसो
खो खो खो खो
सामको घसघसो
पिशाक आयलो राग
सोंशाचेर मारलो पोसो
सोंसो पळळो बिळांत
उपडी पडलो पिसो

९. बुकलो

एक आसलो बुकलो
घरांत राव एकलो
ताका मेळळो कोंब्या दोकलो
दोकलो आसलो धाकलो
बेगीन बेगीन खालो
खांवपाक मात्सो चुकलो
दोकलो लागलो ताळ्याक
ताळो बरोच दुखलो
खोक खोक खोकलो
भक्क करून ओंकलो
तेन्ना सावन बुकलो
इल्लो इल्लो सुकलो

१०. सुणो

एक आसलो सुणो
तकलेन इल्लो उणो
दाव्या पांयान कुट्टालो
बऱ्या मनशांक पिडटालो
शेंपडेक बांदलो बांगडो
भेंडान जालो वांकडो
सुणो घुंव घुंवलो
घुंवत घुंवत रावलो
बांगडो खावंक मेळना
सुणो कोणाक भोंकना

११. माकड

एक आसलो माकड
ताका मेळ्ळें बोकड
बोकडाक घेवन माकड
पेरीर चडलो ऊंच
थंय आसलें पिकें पेर
पेराक लागून दोगांयचें
झाडार पेटलें झूज.
माकडान बोकडाचे तकलेर
मारली एक कूटली
पांय निसरून बोकडाची
सकल पडली गुटली



१२. बोकडी

एक आसली बोकडी
चलतां चलतां हागडी
शिंगां आसलीं वाकडीं
बोकडी आसली सुकडी
पेज जेवली उकडी
बोकडी फुगली रोकडी
घालूंक लागली फुगडी
भोवंक लागली उगडी
हालोवंक लागली माडी
चलोवंक लागली गाडी

१३. हुंदीर



एक आसलो हुंदीर
हांगा थंय धांवतालो
खेळटालो आपलेच धुंदीर
चोरून खातालो खीर
एक दीस ताचे शेंपडेक
तोपलो सान्नी व्हीर
हुंदीर भिवन पळ्ळो घरांत

घुंवळून पडलो जमनीर
थंय आसलो कीर
कीरान ओडून काडलो व्हीर
आनी दिलो ताका धीर
पिवंक दिलें उदीक
हाडलो साबुद्दीर
दोळे उगडून पळय जाल्यार
तें आसलें गणेश-मंदीर
कानाक धरून 'बाप्पान' म्हणलें
''चोरून खातलो खीर ?''

१४. म्हस

एक.आसली म्हस
लोळून जाल्ली घंस
तिका बांदली खुंट्याक
आंगाक काडलो पोस
घांसून घांसून फाटीचो
काडलो काळो कस
तोंडांत घालो रोस
रोस आसलो आंबट

तोंडांत भरले मूस
कानांत गेले मूस
नाकांत गेले मूस
नाकांत तिच्या शिरकलें
मुसाचें एक कूस
म्हस लागली शिंकूंक
फूंस फूंस फूंस
म्हणूक लागली कोणूयतरी
नाक म्हजें पूस...
नाक म्हजें पूस...

१५. पाडूक

एक आसलें पाडूक
चणे खाय कुडूक कुडूक
चण्यामदें लिपून बसलें
नुस्त्याचें एक बोडूक
चण्यावांगडा पाडकाच्या तोंडांत
गेलें नुस्त्या बोडूक
बोडूक लागलें उडूंक
तोंडांत पुटूक पुटूक
बोडूक लागलें उडूंक तशें
पाडूक लागलें रडूंक
आवयन हात घालून
बोडूक काडलें ओडून
बोडकाक काडलें सोलून
"चण्यांत कित्याक लिपून रावल्लें?
पोराक म्हज्या पिडूंक?"

१६. रेडो

एक आसलो रेडो
ताच्या लग्नाक गेलो चेडो
सगल्या जाणानी घट धरून
चेड्याक केलो धेडो
धेड्याक खावंक दिलो
खडपायेदो लाडू आनी
बेड्या येदो पेडो
पेडो खावन जातकच
हातांत दिलो पिडो

पिडो घेवन चेडो रागान
वाजोवंक लागलो हांडो
म्हणूक लागलो मांडो
गावंक लागलो पाडो
धोलूंक लागलो गाडो
नाचूंक लागलो घोडो
हतयान केलो नाडो

१७. गाय



एक आसली गाय
तिचो खळयेंत पडलो पांय
आनी पांयाक जालो घाय
हाय हाय हाय
तिणे म्हटलें बाय
म्हाका घरा व्हरून पाय
आनी घाव्याक वखद लाय
हाय हाय हाय

बायन हाडली पेनाची शाय
"खंय लावंक जाय?"
गायन सांगलें "नाका बाय,
लाव नाका शाय
म्हज्या घाव्याक लाय
दुदावयली साय.. बाय
दुदावयली साय"

१८. मोर

एक आसलो मोर
ताच्या पांखापांखार आसले
मनभुलायणे कोर
नाचतां नाचतां
पांखाट्यांत पडलें
बोरीवयलें बोर
बोर सोदपाक धांवत आयलो

म्हादेवालो पोर
सोदतां सोदतां ताका मेळळें
हरवें हरवें तोर
मिटक्यो मारीत पोरान
आंबट खालें तोर
दुसरे दिसा पोराक आयलो
कुडकुड्याचो जोर
धांवत आयलो मोर
काडून दिलें पांख
''कितें जाय तें सांग''
खावंक दिलें बोर
''आनीक जाल्यार माग''
मोराक पळोवन पोराचो
सकल देंवलो जोर

१९. बगळो

एक आसलो बगळो
ताचो लांब आसलो गळो
गांयडोळ समजून एक दीस ताणे
गिळळो तांबडो बाळो
बाळो ताळ्यांत हुळहुळळो
बगळो भियेवन कुळकुळळो
ल्हवू ल्हवू बगळ्याचो
दुखपाक लागलो गळो
मान हालयत बगळो
पळ पळ पळळो

२०. कोंबो



एक आसलो कोंबो
एका पांयान पांगो
पांखां फुलयत झेत मारीत
आंब्या मुळांत उबो

वयर साकून ढब्ब करून
तकलेर पडलो आंबो
कोंब्यान केलें कोकोंच कों
कानांत जालें रों रों रों
आवाज जालो घोगरो
तकलेक फुटलो शेंकरो
गळ्यासकयल तांबडो तांबडो
गळळो रगता थेंबो

२१. कीर

एक आसलो कीर
शेपडी आसली अशीर
पणजे वचूंक जाय म्हूण
बसलो एके बशीर
बसीन मारलो ब्रेक आनी
कीर पडलो म्हशीर
म्हशीन ताका व्हरून उडयलो
मिरसांगांचे राशीर
थयं आसली म्हातारी

तिणे म्हटलें "ऊठ किरा
म्हाका जाता उशीर
मिरसांगो म्हज्यो खांव नाका
दिता तुका खीर"
किरान म्हणलें "खीर नाका
दिता जाल्यार दी म्हाका
पिक्या पेरा शीर
आनी पणजे वचूंक धीर"

२२. कावळो

एक आसलो कावळो
काळो काळो काळो
पावस येता म्हूण
एका घरार बसून
घुंवडायतालो दोळो
पांय ताचो लागून
हाललो घरा नळो
नळो हाललो तसो
पावस भितर गळ्ळो
चुलीर भाजतालो पोळो
उदक पडून तव्यार
पोळो सकसळ्ळो
आयकून तव्याचो सळसळ
कावळो जीव घेवन पळ्ळो

२३. बकें



एक आसलें बकें
धवें धवें धवें
मळबांत उडटालें
तायट करून दोके
मळबांत दाटलें धुकें म्हूण
बकें सकल देवलें
तळये धडेर बसलें
वरशे करून खाके
तळये उदकांत भोंवतालें
इल्ले इल्लें नुस्तें
बक्यान झोंपय मारून
धरलें एक भोपशें
जमनीर दवरून पळय जाल्यार
नुस्ते आसलें सुकें
पोट फोडून पळय जाल्यार
भितर सगलें पोकें

२४. घुगूम



एक आसलें घुगूम
गुटूर घूम गुटूर घूम
शीं खाता म्हूण
वोताक बसलें शेकूंक
थंय आसलें सूम
घुगमाक आयलें येवजून
सूम घेवन घुगूम
दर्यांत गेलें पागूंक
दर्यांत पडलें विमान
फार जालो भूम्म
बुडटां बुडटां विमान
आदार लागलें मागूंक
घुगमान ताच्या म्हऱ्यांत
उडयलें आपलें सूम

२५. घोण

एक आसली घोण
तिका नासलो कोण
मळबांत घिरट्यो घालतां घालतां
वरां जालीं दोन
तानेक उदक सोदतां सोदतां
जमनीर दिसलो फोंड
लागी वचून पळय जाल्यार
दुकराचें कोंण
त्या कोंणांत हुळहुळटाली
धुकराची सोंड
कोंणा धडेर कद्यांत
आसलें बरें धोण
घोणीन घालतांच तोंड
धुकरान मारली सोंड

२६. कोलो

एक आसलो कोलो
कोंबयो चोरून खातालो
बाबून ताका धरलो
मेणान केलो ओलो
भेंडाक बांदलो वालो
वोतान व्हरून थेयलो
मेण वोतान कडलें
वालो भेंडाक दसलो
कोलो तसोच गेलो
कापशिणी मुळांत लोळळो
लोळटां लोळटां ताचो
वालो सुटून गेलो

आंगाक कापूस दसलो
तसोच रानांत गेलो
सोंशाच्या एका पोरान
धव्या कोल्याक पळयलो
सोंशा वाड्यार वचून ताणे
मोठो बोवाळ घालो
"वाटेंतल्यान भोंवतना हांवे
व्हडलो सोंसो पळयलो
कान ताचे ल्हान
शेंपडी इतली लांब
आमचेवरी उलयना
आमचेवरी भियेना"
सगले सोंशा गुटले
ताका पळोवंक धांवले
सोंशांचें तें सैन्य पळोवन
कोल्यान म्हणलें "कूय,
होंडक्यांतलें उदक हाडून
आंग म्हजें धूय"

२७. जल्लो

एक आसलो जल्लो
पालीक पळोवन भिल्लो
पालीन ताका धल्लो
चाबून चाबून माल्लो
जल्ल्यान म्हणलें मरतां
पोट तुजें भरतां
तूं अशेंच करता
लिपून आमका धरता
जाणा जावन तुका
भियेवन काडले दीस
जसो मारला म्हाका
तुका मारतलो मनीस

२८. भिकूण

एक आसलो भिकूण
खाटींत रावलो लिपून
कोण रावता न्हिदून
उठोवंक लागलो चाबून
रगत पिवन पिवन
भिकूण गेलो फुगून
खाटीर न्हिदून न्हिदून
बाबा गेलो सुकून

२९. जिवाणें

एक आसलें जिवाणें
तें गेलें आमोणे
थंय साकून गिमोणे
व्हड्यांत बसून हळदोणे
टॅक्सींत बसून हणजुणे
बाजारांत केले पेणे
पदेराले खाले उणे
भाजयेकान्नीले भेणे
चणेकाराले चणे
न्हिदूंक गेल्ले मेवणे
तांचें खालें मणगणें
परतून आयलें चिंचोणे
ट्रॅनींत बसून पेडणे
विमानांत बसून पुणे
इतलेंय करून ताका
पळयलेंना कोणे



३०. जळार

एक आसली जळार
बोलानी खेळन दिसलें म्हूण
गेली खेळा मळार
गोलार उबी आसली बळार
बोल समजून जळारीन
खोंट मारली लोखणा गुळ्यार
पांय बरोच दुखलो देखून
वचून बसली बळारी दोळ्यार
बळारीन धांपलो दोळो तशी
गेली बळारीच्या चोंची सुळार
चोंच उगती करचे आदीच
उडून बसली सोरपा बिळार
मजा ताची पळयत आसलो
सोरोप बसून झाडा मुळार
सोरपान फोंस्स करनाफुडें
जळार परतून बसली गुळ्यार

३१. मूय

एक आसली मूय
झाडा पानार चलतां चलतां
सकल पडली भूंय
थंय आसली जूय,
तिचेर आसलो केंस
केंसार आसली उय
मुयेन म्हणलें "कितें गे,
जाय काय जूय?"
उयेन सांगले, "मुये,
ही जूय, हांव ऊय.
तोंड तुजें लोळ्ळां तें
पयली वचून धूय."

३२. म्होंवामूस

एक आसलो म्होंवामूस
ताणे सांगलें आवयक
''म्हाका जाय आंब्या ज्यूस''
आवयन म्हणलें ''बाबा,
म्हाका खंय करूंक कळटा ज्यूस?
वचून बापाय म्हज्यांत रूस
नातर हतया सोंडयेंत घूस
तोच तुका हाडून दितलो
जाय तसलो ज्यूस''
मूस गेलो हतया म्हज्यांत
''म्हाका जाय आंब्या ज्यूस''
हतयान म्हणलें, ''बाबारे,
हांव खंयच्यान हाडूं ज्यूस?
केळीं खा, आंबे खा
मोडून दितां ऊस

सगलें खा तूंच
पूण मागू नाका ज्यूस''
''जाँय म्हणल्यार जाय''
मूस उडलो ऊंच
हतया सोंडयेंत घुसून
मारलें एक कूस
हतयाचे लांब सोंडयेक
आयली रोकडीच सूज
हत्ती धांवलो शारांत
करीत फूंस फूंस
घालो बरोच धुडगूस
ज्यूसवालो लिपलो
माथ्यार घेवन बुरणूस
सोंडयेंत घेतलो ज्यूस
रानांत मारली कूस
मुसा म्हज्यांत ओतलो
सगलो आंब्या ज्यूस
पोटभर पिलो आनी
ज्यूसान न्हालो मूस.

३३. कोंबी

एक आसली कोंबी
पिलां मदें उबी
सोमीन म्हणलें - "कोंबये, कोंबये,
कितें तुका जाय?"
कोंबयेन म्हणलें कुकुडू कुकुडू
म्हाका नाका कांय
पिलां म्हजीं अशीं
सकाळ च्यान उपाशीं
तुमी जेवात उंडयो
आमकां घालात कणयो
पिलां खोशीं जातलीं
वेंचून वेंचून खातलीं

३४. बेबो

एक आसलो बेबो
खुब्यार रावलो उबो
खुब्यान उगडलें तोंड
बेब्यान हालयलें भेंड
खुब्यान म्हणलें "देंव.
उदका भितर पेंव"
बेब्यान म्हणलें "हांडीर धर
बाजारांत भोंवडावंक व्हर"
खुबो जागचो हालना
बेबो सकयल देंवना
थंय आयली खुबेकान्न
पांटलो घेवन हातांत
बेबो पळ्ळो उदकांत
खुबो गेलो रेब्यांत



३५. नाग

एक आसलो नाग
तकलेर आसलो दाग
उबो रावलो बिळार
भुरगे खेळटाले मळार
नागाक पळोवन भिले
पळा पळा म्हणलें
नागान म्हणलें "भिव नाकात
म्हाका पळोवन धांवू नाकात
एकल्यान उबारली बडी
नागान हालयली तकली
सगले पडले पायां
नाग गेलो बिळां



३६. मानगें

एक आसलें मानगें
उदका पोंदा रावलें
फाट ताची खडबडीत
दोळे मोठ्ठे बिटबिटीत
उदका पोंदा रावून
सगलें घेतालें तेळून.
एक दीस एक कोलो
तानेक उदक पितालो
मानग्यान तोंड उगडलें
कोल्यान म्हणलें "मानग्या,
तोंड तुजें खूब सुंदर
बरें आसतलें पोटांत भितर
हांव तुज्या पोटांत
एक भोंवडी मारतां
म्हज्या सगल्या पोरांक
रोकडोच घेवन येतां
तांकां सगल्यांक तुज्या
पोटांत व्हरून हाडटां."
अशें म्हणून कोलो
रानांत गेलो पळून
मानगें आशेन रावलें
तोंड उगडें घालून

नाभी प्रकाशन